24th May 2026

8.40am

मुखेल खबरो

- विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आयज नवी दिल्लीत, अमेरिकेचे विदेश मंत्री मार्को रुबियो हांचे कडेन द्विपक्षीय बसका घेतले.
- महाराष्ट्रात एस.आय.टीन, नाशिक टी.सी.एस लैंगीक अत्याचार आनी धर्मांतरण प्रकरणांत, ४ आरोपी आड आरोपपत्र दाखल केलां.
- इझ्राएल आनी हेर इश्ट देशांकडेन जाल्ल्या चर्च उपरांत, इराणा कडेन होर्मुझ सामुद्रखाडी उक्ती करपाविशी एकमत जाल्या, अशें अमेरिकेचे  राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलें.
- भारतीय  हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ आनी विदर्भात, खर उश्णताय ल्हाराचो अदमास उक्तायला.
- गुरिंदरवीर सिंगान एथलेटिक्स फेडरेशन कपांत, दादल्यांच्या 100 मीटर सर्तींत, भांगरा पदक जिखून नवो राष्ट्रीय विक्रम केला.

Rubio Jaishankar  Meet

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आयज नवी दिल्लीच्या हैदराबाद हाऊसांत, अमेरिकेचे विदेश मंत्री मार्को रुबियो हांचे कडेन द्विपक्षीय बसका घेतले. प्रादेशिक आनी जागतीक शांतताय आनी सुरक्षे संबंदीत प्रस्नां सयत, विंगड विंगड विशयांचेर चर्चा करतले. मंत्री रुबियो काल चार दिसांच्या भेटीचेर, क्वाड विदेश वेव्हार मंत्र्यांचे बसकेंत वांटो घेवपा खातीर भारतांत पावले. काल तांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन संरक्षण, रणनिती तंत्रगिन्यान, वेपार आनी गुंतवणूक, उर्जा सुरक्षा, जोडणी, शिक्षण आनी लोकां मदीं संबंद, अशा विंगड विंगड क्षेत्रांत द्विपक्षीय सहकार्य करपाविशी म्हायती दिली.  भारत आनी अमेरिका संयुक्तपणान, लागींच्यान वावर करतली, अशें प्रधानमंत्री  मोदी हांणी स्पश्ट केलें. मंत्री रुबियोन अस्तंत आशियांतल्या परिस्थिती सयत, वेगवेगळ्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर अमेरिकेची भूमिका आणि मत मांडले. ताणी भारताक अमेरिकेचो म्हत्वाचो भागीदार म्हणला.

Maharashtra SIT - 70

महाराष्ट्रांत शारांतल्या टी.सी.एस सुविधे कडेन संबंदीत आशिल्ल्या, लैंगीक अत्याचार आनी धर्मांतराचो यत्न केल्ल्या प्रकरणांत, नाशिक हांगाच्या न्यायालयांत 1 हजार 500 पानांचें आरोपपत्र दाखल केलां. एस.आय.टीचे मुखेली संदीप मिटके हांणी दिल्ले म्हायती प्रमाण काल मतीन पटेल, निदा खान, दानिश शेख आनी तौसीफ अत्तर ह्या चार आरोपीं आड आरोपपत्र दाखल केलां. फुडल्या तीन ते चार दिसां भितर, गुन्यांवांकडेन संबंदीत सात ते आठ व्यक्तींचेर अतिरिक्त आरोपपत्र दाखल करपाची शक्यताय आसा, अशें तांणी सांगलें.

Rozgar Mela PM Modi - 50

नागरिकांचें जिवीत सुदारपाक, सरकारी नोकऱ्यो हें म्हत्वाचें साधन आसा, हाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिलो. काल व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवी 19व्या रोजगार मेलाक संबोधीत करतना प्रधानमंत्र्यांनी म्हटलें, कि

(Byte - PM Karmayogi)

तशेंच प्रधानमंत्री मोदी हांणी वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांनी नव्यान भरती जाल्ल्या ५१ हजारां वयर लोकांक, नेमणूक पत्रां वांटलीं.

पीएम विकसित भारत - 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दरेका भारतीय नागरिकांक, 2047 मेरेन विकसित भारताची वचनबद्धताय घेवन मुखार वचचे, अशे सांगला. हें ध्येय साध्य करपा खातीर देश जायत्या क्षेत्रांनी गुंतवणूक करता. देशांतल्या तरणाट्यां खातीर, नवे रोजगार संदी निर्माण जावपाक लागल्यात, हाचेर प्रधानमंत्र्यानि भर दिलो.

(Byte - Viksit PM)

Israel Hormuz

इझ्राएल आनी हेर इश्ट देशांक फोन केल्या उपरांत, इराणा कडेन होर्मुझ सामुद्रखाडी उक्ती करपा सयत कबलात जाल्या, अशें अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलें. ट्रम्प हांणी, ह्या कराराचे निमाणे तपशीलांचेर चर्चा सुरू आसा आनी ती रोखडीच जाहीर जातली, अशे सांगला. साउदी अरेबिया, संयुक्त अरब अमीरात, कतार, पाकिस्तान, तुर्कस्तान, इजिप्त, जॉर्डन आनी बहरीन ह्या देशांतल्या फुडाऱ्यां कडेन, उलयिल्ल्याचें राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी सांगलें. अमेरिका आनी इरानाचे एकमत जावपाक लागला, अशें इराणी विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते एस्माईल बकाये हांणी, हाचे आदीं उलयतना सांगलें.

गोयल कॅनडा भेट -

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल फाल्यां सावन, भारतीय वेवसायीक फुडाऱ्यांच्या शिश्टमंडळा वांगडा, तीन दिसांखातीर कॅनडाच्या दौऱ्यात वतले. वेपार, गुंतवणूक, आनी भारत-कॅनडा व्यापक अर्थीक भागीदारी करार, सी.ई.पी.ए मुखार व्हरपाखातीर मंत्री गोयल, ऑटवा आनी टोरोंटो हांगा द्विपक्षीय बसका घेतले, अशें वाणिज्य मंत्रालयान सांगला. अंदू मार्चांत, प्रधानमंत्री मार्क कार्नी हांच्या भारत भेटी वेळार, ह्या संदर्भांत, अटीचेर स्वाक्षरी जाल्ली. हे विशी पयली चर्चा मार्चांत जाली आनी दुसरी चर्चा 8 मे दिसा जाल्ली.

Piyush Goyal -

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी काल नवी दिल्लींत, बोईंग कंपनींत कार्यकारी उपाध्यक्ष, जागतीक भौशीक धोरण आनी कॉर्पोरेट रणनिती, जेफ शॉकी हांची भेट घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्री गोयल हाणी, बसके वेळार दोनूय वटांनी विमान येरादारी आनी एरो-स्पेस उत्पादनांत भारत-अमेरिकन सहकार्याक मुखार व्हरपाखातीर उपाय येवजण्या विषयी चर्चा केल्या. देखरेख, दुरुस्ती, कुशळटाय, पुरवण साखळी, नवनिर्माण आनी विस्वासांत घेवपा सारकें जागतीक उत्पादन आनी अभियांत्रिकी केंद्र म्हूण, भारताची भुमिका विकसित करपाचेर, चर्चा जाली, अशें तांणी सांगलें.

IPL Cricket -

आयपीएल क्रिकेटांत, काल रातीं लखनौच्या एकाना क्रिकेट स्टेडियमाचेर, पंजाब किंग्स पंगडान लखनौ सुपर जायंटसाक 7 विकेटींनी हारयलो. मजगती, आयज कोलकाताच्या ईडन गार्डन्सांत, कोलकाता नाइट रायडर्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स ह्या पंगडा मदी सांजे 07.30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

एथलेटिक्स फेडरेशन कप -

गुरिंदरवीर सिंगान 2026 वर्साच्या, एथलेटिक्स फेडरेशन कपांतल्या दादल्यांच्या 100 मीटर सर्तींत, भांगरा पदक जिखून 10.09 सेकंदांचो, नवो राष्ट्रीय विक्रम केला. अनीमेश कुजुरान 10.20 सेकंद वेळान रुप्या पदक मेळयलें, जाल्यार प्रणव प्रमोद हांणी 10.29 सेकंदांनी, कांस्य पदक जोडलें. मजगती, दादल्यांच्या 400 मीटर सर्तींत विशाल टी.के. हाणी 44.98 सेकंदांचो, नवो राष्ट्रीय विक्रम करून भांगरा पदक जिखलें. राजेश रमेशान 45.31 सेकंदांनी रुप्या पदक मेळयलें, जाल्यार जय कुमारान 45.47 सेकंदांनी कांस्य पदक जोडलें.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, उदेंत मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश, आनी विदर्भ ह्या वाठारांनी खर उश्णताय ल्हारांचो अदमास उक्तायला. तशेंच बिहार, छत्तीसगढ, झारखंड, ओडिशा, पंजाब, राजस्थान, तेलंगणा, अस्तंत मध्य प्रदेश आनी अस्तंत उत्तर प्रदेश वाठारांत अशेच हवामान आसपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण आंध्र प्रदेश, अस्तंत बंगाल आनी ओडिशा वाठारांत उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा. तेलंगणा, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भांत रातच्या वेळार उश्णताय आसतली. तशेंच आसाम, मेघालय, उपहिमालय अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम ह्या वाठारांनी आयज उटानगराचो पावस पडटलो, असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर, बिहार, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, लक्षद्वीप आनी

ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनी आयज गडगड आनी वीज पडपाची, शक्यताय आसा.

Announcement

ही आसा एक कळोवणी. आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्ग वारीत, तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर, पीराय 21 ते 50 वर्सां, कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान, इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब तशेच प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर.एन.यू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अर्ज करपाक निमणी तारीख 1 जून अशी आसा.

परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आयज नवी दिल्लीत, अमेरिकेचे विदेश मंत्री मार्को रुबियो हांचे कडेन द्विपक्षीय बसका घेतले.
- महाराष्ट्रात एस.आय.टीन, नाशिक टी.सी.एस लैंगीक अत्याचार आनी धर्मांतरण प्रकरणांत, ४ आरोपी आड आरोपपत्र दाखल केलां.
- इझ्राएल आनी हेर इश्ट देशांकडेन जाल्ल्या चर्च उपरांत, इराणा कडेन होर्मुझ सामुद्रखाडी उक्ती करपाविशी एकमत जाल्या, अशें अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलें.
- भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ आनी विदर्भांत, खर उश्णताय ल्हाराचो अदमास उक्तायला.
- गुरिंदरवीर सिंगान एथलेटिक्स फेडरेशन कपांत, दादल्यांच्या 100 मीटर सर्तींत, भांगरा पदक जिखून नवो राष्ट्रीय विक्रम केला.

-------------